Date : 05/11/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM वाचपी : सविता बर्वे

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी सविता बर्वे तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज नवी दिल्लींतल्या इंदिरा गांधी खेळां संकुलांत आशियाई पॅरा खेळा सर्तीत वा□कर जाल्ल्या भारतीय पंगडा वांगडा उलोवप केले. Bytes१८ sec

जपानांतल्या आयची-नागोयात जाल्ल्या आशियाई पॅराखेळां सर्तीत भारतान आतां मेरेनची सगळ्यांत बरी कामगिरी नोंद केल्या.

उपराष्ट्रपती

शाश्वत उदरगत ही भारताच्या पुर्विल्ल्या परंपरेंतल्यान रुजल्ली संकल्पना आसा अशे उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन हांणी म्हणला. नवी दिल्लींत जाल्ले भारत नवीकरणीय उर्जा परिशदेच्या निमाण्या अधिवेशनांत ते उलयताले.

नवीकरणीय उर्जा क्षेत्रांतल्यान रोजगार, सवाय वीज आनी आयात खर्च उणो जावपाक लागला अशें तांणी सांगलें. मजगतीं, फा□ल्या दशकांत नवीकरणीय उर्जा क्षेत्रांत 15 लाख को□ी परस चड गुंतवणूक जाल्या अशी म्हायती केंद्रीय मंत्री प्रल्हद जोशी हांणी दिल्या.

जितेंद्र सिंग

केंद्रीय कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्यमंत्री डॉ.जितेंद्र सिंग फाल्यां नवी दिल्लींत देशभरांतल्या डिजि□ल लायफ सर्ि□फिके□ मोहिमेच्या पांचव्या आवृत्तीचो शुबारंभ करतले. ही मोहीम 30 नोव्हेंबर मेरेन चलतली. 'जीवन प्रमाण' ॲपा वरवीं मुखामळ वळख प्रमाणीकरणा वरवीं पेन्शनरांक हयातीचे प्रमाणपत्रां सादर करपाची प्रक्रिया सोपी आनी सु□सु□ीत करपाचो हे मोहिमेचो हेतू आसा. भौशीक क्षेत्रांतल्यो बँको, इंडिया पोस□ पेमेंट्स बँक, युआयडीएआय आनी वेगवेगळीं पेन्शनर संस्था हे मोहिमेंत वां□ो घेतले .तशेच दुर्येसाक लागून प्रवास करपाक मेळनाशिल्ल्या ज्येश्ठ नागरिकांक, बायलांक आनी निवृत्तीवेतनधारकांक घरामेरेन सेवा उपलब्ध करून दितले.

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान वखदां नेम, १९४५त दुरुस्ती करपाचो प्रस्ताव मांडला.हाचे प्रमाण कांय वखदा म्हत्वाच्या गुणवत्तेच्या मापदंडांचेर 'योग्य दर्ज्याची ना'अशें दिसून आयल्यार ताचे उत्पादन परवाने बेगोबेग स्थगीत करपाची तरतूद आसतली. प्रस्तावीत सुदारणांचो हेत निकृष्ट दर्जाच्या वखदांचो सोद लागल्यार बेगोबेग नियामक हस्तक्षेप सुनिश्चीत करप, तांचें उत्पादन आनी वितरण थांबवप,तशेच दुयेंतीची सुरक्षा आनी भौशीक भलायकेचे पालन सुनिश्चीत करपा खातीर यंत्रणा घट्मू करप हो आसा .

जी राम जी'

केंद्र सरकारान सगळ्या राज्यांक आनी केंद्रीय प्रदेशांक 'विकसीत भारत रोजगार आनी आजीविका हमी मिशन ग्रामीण' वा 'जी राम जी' कायदो, 2025 खाला चारा सुरक्षा, कुरण विकास आणि पशुधनविशी मुळावी बांदावळ घट्मू करपा खातीर मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. ह्या उपक्रमांक लागून ल्हान आनी अल्पभूधारक शेतकार तशेंच पशुपालनाचेर आदारून आशिल्ल्या गांवगिऱ्या कुटुंबांचो उदरनिर्वाह घट्मू जातलो.

ख्रेळ

युवा भारतीय बॅडमिंट्न खेळगडे तनवी पात्री हिणे डकारात चालू आशिल्ल्या 'युथ ऑलिम्पिक बायलांच्या बॅडमिंट्न सर्तीच्या निमाणे फेरयेत पावल घालून इतिहास रचलो .

आयज आशियाई चॅम्पियन्स ट्रॉफी हॉकी सर्तीच्या फायनलींत भारत आनी जपान पांगडा आड खेळट्लो . हो खेळ सांजे 7 वरांचेर मोहालीं सुरू जातलो .

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यामेरेन दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, दक्षिण कर्नाट्क, तमिळनाडू आनी केरळमात चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्या आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळ□ले फाल्या सकाळी आठ जावण ४० मिंन□ाचेर